**राज्यपालाकडल्यान कार्डिनल फिलिप नेरी रॉड्रिग्स हांचे अभिनंदन**

ता. 16 सप्टेंबर 2022

राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी आयज आर्चबिशप हाऊस, आल्तिन- पणजी हांगा भेट दिवन कार्डिनल फिलिप नेरी रॉड्रिग्स हांची भेट घेतली आनी तांची कार्डिनल म्हूण नेमणूक जाल्लेखातीर अभिनंदन केले.

ह्या वेळार कार्डिनलाचे सचीव फा. ज्योकिम लॉयला पेरेरा, आर्चबिशप हाऊसाचे चान्सलर फा. रोमियो मोन्तेरो आनी सहाय्यक प्रोक्युरेटर फा. मारियो सौझा उपस्थित आशिल्ले.

फाटल्या म्हयन्यात रोमात जाल्ल्या सुवाळ्यात फिलिप नेरी रॉड्रिग्स हांची कार्डिनल म्हूण नेमणूक जाल्ली.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/543

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji